Panaji National

06 September 2026  6.30 PM

PM On Economy (66)

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीयांक व्हड सपन पळोवचें आनी फुडाकार घेवपाचें आवाहन केलां. भारताक संवसारांतल्या मुखेल कंपनींचें फुडारपण करपाक मेळळें जाल्यार भारतीय उद्देगूय संवसारांत फुडाकार घेवंक शकता अशें तांणी सांगलां. भारताच्या तारणाट्यांनी आदल्या पिळग्यां परस व्हड सपन पळोवन संवसारीक पांवड्यार फुडारपण करपाचो उलो प्रधानमंत्र्यांनी मारला. भारताक मेळपी व्हड अर्थवेवस्थेच्या दर्जाची आयज संवसारभर तोखणाय जाता हाचेरय प्रधानमंत्र्यानी भर दिलो आनी सांगलें....

Vice President on education (67)

फकत करिअराखातीर तयार करपा परस फुडें वचून लोकशाय आनी समाजा खातीर जाबसालदार नागरिक करपाचेर शिक्षणीक संस्थांनी लक्ष केंद्रीत करचें अशें उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन हांणी सांगलां. आयज गुवाहाटीच्या गीतानगर कॉलेजीच्या भांगरा महोत्सवांत ते उलयताले. उच्च शिक्षण घेवन बायलांच्या वाढलेल्या यशाचेर भर दितना उपराष्ट्रपतीनी तांका 'नारी शक्ती'चें प्रतिबिंब अशें म्हणलां. बायलांक सारके शिक्षण आनी संद दिल्यार तांकां स्वताच्या पांयांचेर उबे रावपाक मेळटा, जें खरेंच सशक्तीकरण आसा अशेंय तांणी नदरेक हाडलें.

Amit Shah Goa (108)

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज 2029 मेरेन देश ड्रग्स मुक्त करपा खातीर तीन वर्सांचो आराखडो सादर केलो आनी ड्रग्स आड समन्वयात्मक राष्ट्रीय मोहीम सुरू करपाचोय

उलो मारला. घरमंत्री शाह तीन दिसांखातीर गोंयच्या भेटीर आशिल्ले. हे वेळार जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. सरकारान 100 आंतरराष्ट्रीय आनी आंतरराज्य ड्रग्स संबंदीत नेटवर्क मोडून उडोवप, अशा गुन्यांवांचे 100 फरार आरोपी भारतांत परत हाडप आनी फुडल्या तीन वर्सांत 100 गुप्त ड्रग्स प्रयोगशाळा मोडून उडोवपाचें लक्ष्य थारायलां. गोंयांत अँटी-नार्कोटिक्स टास्क फोर्स कार्यरत आसा अशें सांगून शाहा हांणी हे मोहिमेक जनता आनी प्रसार माध्यमांनी आदार दिवचो अशें आवाहन केलां.

Delhi Building Collapses (74)

नवी दिल्लीच्या सत्य निकेतन वाठारांत आयज पांच माळयेची इमारत कोसळ्ळी. दिल्ली उजो पालोवपी दळाच्या म्हणण्या प्रमाण तीन जाणांची सुटका केल्या.  तांकां लागसारच्या हॉस्पिटलांत दाखल केलां. तशेंच मदत आनी बचाव कार्याखातीर 18 उजो पालोवपी इंजिनां थळाव्या सुवातेर तैनात केल्यांत. खबरदारी खातीर लागसारची इमारतय रिकामी केलां आनी आडखळिल्ल्या लोकांक सुरक्षीतपणान भायर काडपा खातीर आनी बाधित कुटुंबांक बेगोबेग मजत दिवपा खातीर सगळे यत्न सुरू आसात अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत दिल्लीच्यो मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता हांणी सांगलां.

UP Floods (26)

व्हड पावस आनी बॅरेजातल्या उदकाक लागून उत्तर प्रदेशांतल्या 24 जिल्ह्यांचेर सध्या हुंवाराचो परिणाम जाला. हुंवाराचे परिस्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर उत्तरप्रदेशचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ चित्रकूट जिल्ह्यांत आसात...(byte)

Rajnath Singh Sri Lanka Tour (57)

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग ह्या म्हयन्याच्या 8 ते 10 तारखे मेरेन श्रीलंकेच्या भेटीचेर आसतले. संरक्षण मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण हे भेटी वेळार संरक्षण मंत्री श्रीलंकेच्या फुडाऱ्यां कडेन

उलोवणी करतले तशेंच संरक्षण मंत्रालय आनी परराश्ट्र मंत्रालयांतले वरिश्ठ अधिकारी आशिल्ल्या उच्च पांवड्यावेल्या शिश्टमंडळाचें फुडारपण करतले.

Weather (17)

भारतीय हवामान खात्यान आयज हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, उत्तर प्रदेश आनी राजस्थानांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला.

Sports (29)

बॅडमिंटनांत आयज चायना मास्टर्स सर्तींत सत्विकसैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी ह्या भारतीय जोडयेन दादल्यांच्या दुडवां सर्तींत जैत मेळयलें; ह्या जैताक लागून भारताक चीन मास्टर्स सर्तींत पयलेच खेपे खिताब मेळ्ळां.